# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

## सादर करपी

# दानीएल आनी गूपत सपन



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



राजा नबूकदनेस्सराक एक सपन पडलें आनी हें सपन ताका खूब त्रास दितालें. देवाच्या बळग्यान दानीएल सपनाचो अर्थ राजाक सांगपाक पावलो.




दानीएलान पयली गजाल म्हळयार सपनाचें सारकें वर्णन केले. “तुका एक व्हडली मूर्त दिसली राजा. ताचें रूप अद्‌भुत आशिल्लें!”
3
“मूर्तीची तकली भांगराची आशिल्ली” दानीएलान फुडें सांगलें.
4
“ताची छाती आनी भुजां रुप्याचीं आशिल्लीं.”
5
“ताचें पोट आनी मांडयो कांश्याचीं आशिल्लीं.”
6
“ताचे मांडयो लोखणाचे, कांय पांय लोखणाचे, कांय मातयेचे आशिल्ले.”
7
राजाक पुतळयाचें वर्णन केल्या उपरांत दानीएलान ताका उरिल्लें सपन सांगलें.
8


“हात वापरिनासतना फातर
कापताना तुवें पळयलें” दानीएलान
राजाक सांगलें.
9


“फातरान लोखणाच्या
आनी मातयेच्या पांयांक
मारून तांचे कुडके केले.”
10


“तेन्ना मूर्त धुळिंत कुसकुसून
उडयली.” दानीएल थोडो वेळ
थांबलो. “आनी तो फातर वाडून
एक व्हडलो दोंगर जालो आनी
धर्तरेक भरून गेलो.”
11


राजा विस्मित जालो. ताणें सपनांत पळयल्लें तेंच!
तें दानीएलाक कशें कळ्ळें? फकत देवान दानीएलाक
सांगिल्ल्यान. मागीर दानीएल राजा नबूकदनेस्सराक
त्या सपनाचो अर्थ सांगपाक लागलो.
12


“स्वर्गाच्या देवान
तुका राज्य, शकती,
बळ आनी महिमा
दिल्या” अशें
दानीएलान
राजाक
सांगलें.
“तुमी
भांगराची
ती तकली.”
13


दानीएलान राजाक सांगलें, ताचें
भांगराचें राज्य सोंपतलें.
पुतळ्याचो रुप्याचो भाग
म्हळ्यार ताचे सुवातेर
दुबळें राज्य येतलें.
कांशें म्हणल्यार
आनीक एक
राज्य. आनी
लोखण आनी माती
म्हळयार चवते
राज्य उबे
जातलें.
राज्य १
राज्य २
राज्य ३
राज्य ४
14

दानीएलान राजाक सांगिल्ली निमाणी गजाल म्हळयार ही. “सर्गाचो देव एक राज्य उबारतलो, जें केन्नाच नश्ट जावचें ना.”



15

दानीएलाक आपलें सपन जाणून घेवंक आनी समजून घेवंक बुद्धी फकत देवच दिवंक शकता हें राजाक कळळें. नबूकदनेस्सरान दानीएलाक गिरेस्तकायेचें इनाम दिले आनी ताका राज्यांतलो एक बरोच म्हत्वाचो मनीस केलो.



16



राज्यां १, २ आनी ३ आयलीं आनी गेलीं. देवाचें राज्य, राज्य ४ उपरांत येत आसा.

मेसियास पृथ्वीचेर राज्य करतलो. आनी तें बेगीन जावं येता!

17

दानीएल आनी गूपत सपन

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

दानीएल २

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

18

शेवट

32 60

19

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

20